०३.०५.२०२६   सकाळी 8.४० वरा

आकाशवाणी पणजी केंद्र, प्रादेशिक खबरा विभाग - राष्ट्रीय खबरो

मुखेल खबरो

- अस्तंत बंगालांतल्या फल्टा विधानसभा मतदारसंघांतल्या सहाय्यक मतदान केंद्रां सयत सगल्या 285 मतदान केंद्रांनी वेंचणूक आयोगान फेरमतदान करपाचो आदेश दिला.
- संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी ऑपरेशन सिंदूर हें मोदी सरकारान 'निर्णायक कृती' वरवीं आतंकवाद सोपोवपाच्या 'अखंड संकल्पाचें' प्रतिबिंब अशें म्हणलां.
- म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयान नामनेचे गीतकार, लेखक आनी संचारण तज्ञ प्रसून जोशी हांची भारतांतल्या लोकसेवा प्रसारक - प्रसार भारतीचे अध्यक्ष म्हणून नेमणूक केल्या.
- पदवीपूर्व वैजकीय अभ्यासक्रमांच्या प्रवेशाखातीरची 'राष्ट्रीय पात्रता-सह-प्रवेश परीक्षा' (NEET-UG) आज जातली.
-

सेल ब्रॉडकास्ट सिस्टीम आनी कॉमन अलर्टिंग प्रोटोकॉल सारकिले तंत्रगिन्यान आपणायल्यार आपत्तीक झुज दिवपाखातीर तयार जावपाक खूब बळगें मेळटलें अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहान सांगलां.

भुवनेश्वरांत इंडियन इंडोर उक्ते जोड खेळ आनी पोल वॉल्ट सर्तीन्त  मध्य प्रदेशाचो कुलदीप कुमार हाणे दादल्यांच्या पोल वॉल्टात 5.41m मीटर उडी मारून भांगरा पदक मेळयला

अस्तंत बंगालांतल्या फल्टा विधानसभा मतदारसंघांतल्या सहाय्यक मतदान केंद्रां सयत सगल्या 285 मतदान केंद्रांनी वेंचणूक आयोगान फेरमतदान करपाचो आदेश दिला. बिरेस्तारा फाल्टा विधानसभा मतदारसंघांतल्या व्हड प्रमाणांत मतदान केंद्रांनी मतदानाच्या वेळार वेंचणुकेचे गुन्यांव आनी लोकशाय प्रक्रिया उध्वस्त जाल्ल्याचो उल्लेख आयोगान केला. ह्या म्हयन्याच्या 21 तारखेक सगल्या मतदान केंद्रांनी सकाळीं 7 ते सांजे 6 मेरेन परतून मतदान जातलें. मतमेजणी २४ मे दिसा जातली.

अस्तंत बंगाल वेंचणुकेंत फकत केंद्र सरकाराच्या कर्मचाऱ्यांक मेजणी निरीक्षक म्हणून नेमणूक करपाचो वेंचणूक आयोगान घेतिल्ल्या निर्णयांत भारताच्या सर्वोच्च न्यायालयान हस्तक्षेप करपाक न्हयकार दिला. न्यायमूर्ती पी.एस.नरसिंह आनी न्यायमूर्ती जॉयमल्या बागची हांच्या खंडपिठान आयोगाच्या मार्गदर्शक तत्वांचें खरपणान पालन करचें पडटलें अशें निर्देश दिलां. ह्या कृतीक आव्हान दिवपी तृणमूल काँग्रेसी खातीर हो निकाल एक आडखळ म्हणून आयला.

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी ऑपरेशन सिंदूर हें मोदी सरकारान 'निर्णायक कृती' वरवीं आतंकवाद सोपोवपाच्या 'अखंड संकल्पाचें' प्रतिबिंब अशें म्हणलां. तशेंच ह्या कारवाये वेळार सशस्त्र दळांच्या 'अतुलनीय शौर्यान' भारताच्या लश्करी इतिहासांत 'भांगराचो अध्याय' बरयला अशें तांणी सांगलें. काल नवी दिल्लींत ऑपरेशन सिंदूराच्या पयल्या वर्धापन दिसा आदीं आयोजीत केल्ल्या "शौर्य" नांवाच्या कार्यावळीक संबोधन करतना मत्री सिंग हाणी ही गजाल सांगली. भारतान फाटल्या वर्सा 22 एप्रीलाक पहलगामाचेर जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्याक जाप दितना 7 मे दिसा ऑपरेशन सिंदूर सुरू केल्लो. पाकिस्तानाच्या नियंत्रणा खाला आशिल्ल्या प्रदेशांतल्या आतंकवादाच्या मुळाव्या साधनसुविधांचो लक्ष्य करून हे कारवायेचो उपेग केल्लो.

म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयान नामनेचे गीतकार, लेखक आनी संचारण तज्ञ प्रसून जोशी हांची भारतांतल्या लोकसेवा प्रसारक - प्रसार भारतीचे अध्यक्ष म्हणून नेमणूक केल्या. श्री जोशी एक नामनेचे सृजनशील वेवसायीक आसून ताणी साहित्य, जायरात, सिनेमा, आनी भौशीक संवादांतल्यान व्यापक योगदान दिलां. तांका प्रभावी लेखना खातीर आनी खोलायेन सांस्कृतीक संवेदनशीलते खातीर वळखतात, ताणें समकालीन भारतीय माध्यमांच्या कथनांक आकार दिवपाक म्हत्वाची भुमिका साकारल्या. ताच्या वावरात फामाद  चित्रपट गीता, जायरात आनी देशभरांतल्या वेगवेगळ्या प्रेक्षकां कडेन जोडपी समाजीक प्रतिध्वनीत कथाकथन हांचो आस्पाव जाता.

पदवीपूर्व वैजकीय अभ्यासक्रमांच्या प्रवेशाखातीरची 'राष्ट्रीय पात्रता-सह-प्रवेश परीक्षा' (NEET-UG) आज जातली. परिक्षा दनपारां 2 वरांचेर सुरू जातली आनी सांज ५ वरांचेर सोपतली. नीटच्या म्हायती पत्रिकेप्रमाण परिक्षा केंद्रांत निमाणो प्रवेश दनपारां 1:30 मेरेन मेळटलो. पदवी वैजकी शिक्षणांत प्रवेश मेळोवपा खातीर राष्ट्रीय चांचणी यंत्रणे कडल्यान 2019 वर्सा सावन नीट यूजी चलता, भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालय आनी शिक्षण मंत्रालयाची मान्यताय मेळ्ळया.

विदेश व्यवहार मंत्री Dr. S जयशंकर जमैका, सुरिनाम आनी त्रिनिदाद आनी टोबॅगोक अधिकृत भेट दिवपाक सुरवात करतात आनी ही भेट ह्या म्हयन्याचे 10 मेरेन चालू उरतली. गिरमिटिया समाजाक लागून ह्या देशांचो भारताकडेन खाशेलो संबंद आसा. हे भेटी वेळार जयशकर तिनूय देशांच्या फुडा-यांक मेळटले अशें विदेश व्यवहार मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां. ताच्या समपदस्था कडेन जावपी भासाभासांत द्विपक्षीय संबंद तशेंच परस्पर हिताच्या प्रादेशिक आनी जागतीक प्रस्नांचो आस्पाव जातलो. भारत, जमैका, सुरीनाम, आनी त्रिनिदाद आनी टोबैगो हांचेमदल्या राजकी संबंदांची

गती तिगोवन दवरपाच्या आनी ह्या राश्ट्रांकडेन बऱ्याच काळासावन आशिल्ले आनी इश्टागत करपी संबंद आनीक घटमूट करपाच्या हेतान ही भेट नियोजीत केल्या; ते भायर ही भेट 'दक्षिण-दक्षिण सहकार्याचें' आनी उदरगती कडेन आशिल्ल्या परस्पर वचनबद्धतेचें प्रतिबिंब म्हणून काम करता.

राष्ट्रीय राजधानींत उश्णताय ल्हारांक लागून सरकारी आनी खाजगी क्षेत्रांतल्या सगळ्या मजुरांक दनपारां 1 ते 4 वरां मजगतीं विसव दिवचो पडटलो अशे दिल्लीची मुख्यमंत्री रेखा गुप्ता हांणी सांगलें. ह्या संदर्भांत दिल्ली सरकारान पयलींच निर्देश जारी केल्यात अशी म्हायती तिणें व्हिडियो संदेशांत दिली. तिणें फुडें दिल्ली येरादारी म्हामंडळाच्या बशींत उदकाची उपलब्धताय, उदक आनी ओआरएस आशिल्ल्या बस आश्रयस्थानांचेर जलसेवकांची नेमणूक करप, हॉस्पिटलांनी वैजकी तयारी घटमूट करप अशे मुखेल आदार उपाय जाहीर केले.

सेल ब्रॉडकास्ट सिस्टीम आनी कॉमन अलर्टिंग प्रोटोकॉल सारकिले तंत्रगिन्यान आपणायल्यार आपत्तीक झुज दिवपाखातीर तयार जावपाक खूब बळगें मेळटलें अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहान सांगलां. ह्या उपक्रमाक लागून शासनांत सुदारणा जातली आनी दरेका नागरिकाक म्हायती वेळार आनी प्रभावीपणान प्रसारीत जावपाची खात्री जातली अशे काल सेल ब्रॉडकास्ट अलर्ट प्रणाली सुरू करतना तांणी टिप्पणी केली. आणीबाणी आनी सैमीक संकश्टां संबंदी शिटकावणी दिवपा खातीर हे पद्दतीचो उपेग जातलो. केंद्रीय दूरसंचार मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया हांणी सेल प्रसारण प्रणालीचें उक्तावण केलें. सेंटर फॉर डेव्हलपमेंट ऑफ टेलिमॅटिक्स (सी-डीओटी)-दूरसंचार खात्या खाला-राष्ट्रीय आपत्ती वेवस्थापन प्राधिकरण आनी गृह मंत्रालयाच्या सहकार्यान ताची देशी रितीन विकसीत केल्या. काल पुराय देशांत हे पद्दतीची येसस्वी चांचणी जाली. ह्या व्यायामा वेळार देशभरांतल्या मोबायल फोनाचेर आपत्कालीन

सावधानताय संदेश प्रसारीत जाले. हे प्रक्रियेचो एक भाग म्हूण सायरन अलर्टा वांगडा अधिसुचोवणी नागरिकांच्या मोबायल फोनाचेर धाडली. सैमीक संकश्टां-देखीक सुनामी, भूंयकांप, वीज पडप-तशेंच मनशान तयार केल्ल्या आणीबाणीच्या वेळार, रसायनीक धोक्याच्या वेळार शिटकावणी बेगीन आनी प्रभावीपणान दिवपाखातीर ही देशी पद्दतीन तयार केल्ली आसा. सद्या ही पद्दत भारतांतल्या सगळ्या 36 राज्यांनी आनी केंद्रशासीत प्रदेशांनी कार्यरत आसा.

आकाशवाणी पणजी केंद्राचा खबरा विभागा वरवी 'खबरा वाचक तशेच अणकारक पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. पिराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची. अर्ज करपाची निमणी तारीख 17 मे २०२६ आसा. कोंकणी भाशेचें गिन्यान , तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब आसचें. प्रसारणाखातीर आवाज योग्य आसपाक जाय. इत्सूक उमेदवारांनी आपलो अर्ज 'हेड ऑफ आर एन यू, आकाशवाणी पणजी, आल्तिन्हो, पणजी , गोवा - 403001 हांगा सादर करचो. अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.

भारतीय हवामान खात्यान आयज उत्तरेकडल्या अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा आनी सिक्किम ह्या राज्यांनी तशेंच दक्षिणेकडल्या केरळ, तमिळनाडू आनी पुडुचेरी राज्यांचेर व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. लद्दाख आनी जम्मू-काश्मीराचेर गडगड आनी गारांचे वादळ येवपाची शक्यताय आसा.

भुवनेश्वरांत इंडियन इंडोर उक्ते जोड खेळ आनी पोल वॉल्ट सर्तीन्त  मध्य प्रदेशाचो कुलदीप कुमार हाणे दादल्यांच्या पोल वॉलद्यात 5.41m मीटर उडी मारून भांगरा पदक मेळयलां

आयपीएल क्रिकेटांत काल रातीं चेन्नयच्या एमए चिदंबरम स्टेडियमांत चेन्नय सुपर किंग्सान मुंबय इंडियन्साक 8 विकेटींनी हारयलो. मुंबय इंडियन्सान चेन्नई सुपर किंग्स खातीर 160 धांवड्यांचें लक्ष्य थारायल्लें. लक्ष्याचो फाटलाव करपी सीएसकेन 18.1 ओव्हरींनी 2 विकेटी वगडावन 160 धांवड्यो केल्यो.

डेन्मार्कांतल्या हॉर्सन्स शारांत जावपी थॉमस कप बॅडमिंटन चॅम्पियनशिपाच्या फायनलींत आयज फ्रांसाचो चीन आड खेळ जातलो.

उबेर कपाचे फायनलींत आयज चीन दक्षिण कोरिया आड खेळटलो.